# एससी/एसटी विद्यार्थ्यांखातीर शिक्षणीक मार्गदर्शन कार्यशाळा

ता. 29 नोव्हेंबर 2017
8 मार्गशीष 1939

अनुसूचीत जाती आनी अनुसूचीत जमाती आयोगान एससी आनी एसटी समाजातल्या 11 वी आनी 12 वी इयत्तेत शिकपी विद्यार्थ्यांखातीर ता. 1 डिसेंबर 2017 दीसा सकाळी 9.30 ते दनपरा 1.30 मेरेन राजीव गांधी कला मंदिर फोंडे गोंय हांगा अत्याचार आनी शिक्षणीक मार्गदर्शन विशयाचेर कार्यशाळा आयोजीत केल्या.

प्रो. उदय बाळ्ळीकर, डॉ. उदय गावकर आनी श्री. नागेश सरदेसाय विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन करतलें.

ह्या कार्यशाळेचे उक्तावण आदिवासी कल्याणमंत्री श्री. गोविंद गावडे हांचे हस्तूकीं आयोगाचे अध्यक्ष श्री. प्रकाश एस. वेळीप, आदिवासी कल्याण खात्याचे संचालक श्री. वेनान्सियो फुर्तादो आनी हेर मानेस्तांच्या उपस्थितीत जातले.